# गोंय विधिकार दीस मनयलो

ता. 9 जानेवारी 2025

गोंय विधिकार मंचावतीन आयज पर्वरे विधानसभा प्रकल्पात आयोजीत कार्यक्रमात गोंय विधिकार दीस मनयलो. गोंय विधिकार दीस कार्यक्रमाक गोंयचे आदले आमदार आनी खासदार उपस्थित आशिल्लें. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण हजर आशिल्लें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या आजी-माजी आमदांर आनी खासदारांक एकठाय हाडपाचो कार्यक्रम आयोजीत केल्ले खातीर मंचाचे अभिनंदन केले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान मंचान ह्या वेळार उपस्थित केल्ल्या म्हादय न्हंय, नितळ आनी हरीत गोंय आनी हेर प्रस्नांनी गोंय सरकार लक्ष घालतले, अशें सांगलें. सरकारान अर्थिक तजवीज करून वेगवेगळ्या मळार सुदारणां करपाचे काम सुरू केल्ले आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार गोंय विधानसभेच्या 1989 – 94 च्या वांगड्यांचो भोवमान केलो. मुख्यमंत्र्यान भोवमान जाल्ल्या आदल्या विधानसभा वांगड्यांचे अभिनंदन करून तांणी गोंय राज्याच्या विकासा खातीर म्हत्वाचे योगदान दिल्ले खातीर तांचे उपकार मानले.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात गोंय विधिकार मंचाच्या सांबार उपक्रमांची म्हायती दिली. नव्या नेतृत्वाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर युवा संसद हो एक म्हत्वाचो कार्यक्रम मंचावतीन आयोजीत करपात येता, अशें तांणी सांगलें. गोंय राज्याच्या परजळीत फुडारा खातीर आजी-माजी आमदांर, खासदांर आनी लोकांनी एकवटान योगदान दिवपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव हांणी म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाचो वाद, कॅसिनोचेर बंदी, गोंयची प्रतीमा इबाडपाचे प्रकरण आनी हेर संबंदीत प्रस्नांनी सरकारान लक्ष घालपाची गरज उक्तायली.

गोंय विधिकार मंचाचे खजीनदार सदानंद मळीक हांणी मंचाचो 2023-24 वर्साचो लेखा अहवाल सादर केलो.

सुरवातीक मंचान आदले आमदार सर्गेस्त फ्रांसिस मोन्त कृज आनी सुरेश परूळेकर हांका श्रध्दांजली ओपली.

गोंय विधिकार मंचाचे उपाध्यक्ष विक्टर गोन्साल्विस हांणी निमाणे उपकार मानले.

विधानसभा सचीव नम्रता उल्मन आनी हेर अधिकारीय कार्यावळींक हाजीर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/33

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.